20.02.2025 @ 7.20 pm

**आकाशवाणी पणजीच्या**

**मुखेल खबरो**

**बार्देश म्हालात फाल्या सावन सात दीसाखातीर रस्त्यावेल्या बेवारस आणि पाळीव सुण्यांचे लसीकरण आनी निर्बिजीकरण करपाखातीर खासा मोहीम सरकार चालीक लायता.**

**गोंयच्या विंगड विंगड सिनेमा थिटरांनी सध्या सुरू आशिल्लो छावा हों सिनेमा करमुक्त म्हुण जाहिर केला**

**एलडीसी भरती खातीर घेतिल्ले सीबीटी-2 परिक्षे उपरांत कांय उमेदवारांची प्रमाणपत्रां परतून तपासतले**

**म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान ऑनलायन क्युरेट केल्ल्या सामुग्री प्रकाशकां (ओटीटी प्लॅटफॉर्म) खातीर आनी ओटीटी प्लॅटफॉर्मांच्या स्वयं-नियामक संस्थां खातीर सल्लागार जारी केला.**

**----------**

Rashmi 95

बार्देश म्हालात फाल्या सावन सात दीसाखातीर रस्त्यावेल्या बेवारस आणि पाळीव सुण्यांचे लसीकरण आनी निर्बिजीकरण करपाखातीर खासा मोहीम सरकार चालीक लायता.गोंय पशुसंवर्धन खाते,mission rabbies आनी wvs ह्या बिगर सरकारी संघटनेच्या जोडपालवान ही मोहीम आयोजित केला अशी म्हायती पशुसंवर्धन खात्याचे मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी दील्या.ह्या मोहीमेवरवी 10-12 हजार सुण्यांचे

लसीकरण जातले अशी म्हायती तांणी दील्या.पर्वरे मंत्रालयात घेतील्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताते .ह्यावेळार mission rabbies चे संचालक मुर्गन अप्पुपिल्लय तशेंच WVS चे अधिकारी हाजीर आशील्ले.1500 कर्मचारी तशेंच आंतरराश्टीय स्वंयसेवक ह्या मोहीमेत वाटो घेतले,जाल्यालंर 32 टीम ही मोहीम चालीक लावपाक काम करतले.लोकांनी ह्या मोहीमेदरम्यान सहकार्य करचे अशे आवाहन मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी केला.

Santosh 90

गोंयच्या विंगड विंगड सिनेमा थिटरांनी सध्या सुरू आशिल्लो छावा हों सिनेमा करमुक्त म्हूण जाहिर केल्ले खातीर मुरगांवचो आमदार संकल्प आमोणकार हांणी मुखेल मंत्र्याचे उपकार आठोवन शाळेच्या भुरग्यां खातीर दिसाक एकतरी शो फुकट दाखोवपाची मागणी आमदार आमोणकार हांणी केल्या. वास्को हांगा खबराकारां कडेन उलयताना आमदार आमोणकार हांणी म्हळा की देशाचो इतिहास भुरग्यांक आयज फकत पुस्तकातल्यान कळाटा. छत्रपती शिवाजी आनी संभाजी महाराजांचे कार्य फकत पुस्तकातल्यान कळाटा. पुण सिनेमाच्या माध्यमातल्यान तो इतिहास समजून घेवप सोपें वतलें. हाचो विचार करून सरकारान एकतरी शो भुरग्यां खातीर फुकट दवरपाची मागणी आमदार संकल्प आमोणकर हांणी केल्या.

Ganesh 185

एलडीसी भरती खातीर घेतिल्ले सीबीटी-2 परिक्षे उपरांत कांय उमेदवारांची प्रमाणपत्रां परतून तपासतले. परतून तपासणी खातीर ह्या उमेदवारांक नोटीसींत सांगिल्लीं प्रमाणपत्रां सादर करचीं पडटली. नोटीस जारी केल्ल्या उमेदवारांनी प्रमाणपत्रां सादर करूंक ना जाल्यार फुडले सीबीटी परिक्षे खातीर तें अपात्र थारतलें अशें कर्मचारी भरती

आयोगान स्पश्ट केलां. नोटीसींत उमेदवाराचें नांव सादर करपाक आवश्यक आशिल्लें प्रमाणपत्र नमूद केलां. गरजेची म्हायती आयोगाच्या संकेतथळार आसा. एलडीसी पदा खातीर सीबीटी-2 परिक्षा घेवन आयोगान निकाल जाहीर केला. सीबीटी-3 परिक्षे खातीर पात्रताय वळेरी सीबीटी-2 परिक्षेंतल्या गूणांचेर आदारून तयार करतले. ही वळेरी तयार करचे पयलीं आयोगान कांय उमेदवारांक प्रमाणपत्रां सादर करपाक सांगलां. आयोगान 77 उमेदवारांक अणभव प्रमाणपत्र सादर करपाक सांगलां. ते भायर एक्स सर्वीसमॅन गटांतल्या 84 उमेदवारांनी निवृत्ती वा सेवेंतल्यान मुक्त केल्ल्याचे प्रमाणपत्र सादर करप गरजेचें आसा. खेळगडे गटांतल्या 20 उमेदवारांक खेळगडो प्रमाणपत्र (स्पोर्टसमॅन सर्टिफिकेट) सादर करपाक सांगलां. तांच्या प्रमाणपत्रांची तपासणी 24 आनी 25 फेब्रुवारीक सुचोवणेंत सांगिल्ल्या वेळार जातली. हाचे भायर दिव्यांग गटांतल्या 52 उमेदवारांक दिव्यांग प्रमाणपत्र/वैजकी प्रमाणपत्र सादर करपाक सांगलां. दिव्यांग गटांतल्या उमेदवारांनी 25 फेब्रुवारी मेरेन us.gssc@goa.gov.in ह्या ईमेलाचेर प्रमाणपत्र धाडचें अशें सुचोवणेंत नमूद केलां. नोटीस जारी केल्ल्या उमेदवारांच्या प्रमाणपत्रां संबंदी दुबाव आयिल्ल्यान आयोगान तांकां परतून तपासणी खातीर प्रमाणपत्रां परतून सादर करपाक सांगलां.

Subhash 95

फोंडा वाचक सल्लागार समितीन घडोवन हाडिल्ली डॉ. राम मनोहर लोहिया स्मृती व्याख्यानमाला २२ फेब्रुवारी सावन सुरू जातली. ओंदू ह्या व्याख्यानमाळेचे १९ वे वर्स. खडपाबांध, फोंडा विश्व हिंदू परिषद सभाघरात जातल्या ह्या तीन दिसांचे व्याख्यान माळेंत २२ फेब्रुवारीक, पयले दिसा प्रा. अनिल सामंत हांचे 'रामायण महाकाव्यातील

साहित्यमूल्य आणि जीवनमूल्य ' ह्या विषयाचेर व्याख्यान जातलें. आयतारा २३ तारखेक 'समाजभान येताना ' ह्या विशयाचेर डॉ. दत्ताराम भास्कर देसाई हांचे उलोवप जातले. सोमारा २४ फेब्रुवारी दिसा 'म्हजें व्यसन - वाचन आनी लेख' ह्या विशयाचेर माया खरंगटे हांचे उलोवप जातलें. दर दिसा सांजे पांच वरांचेर व्याख्याना सुरू जातली अशें फोंडा वाचक सल्लागार समितीन कळीत केलां.

प्रसारण 140

म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान ऑनलायन क्युरेट केल्ल्या सामुग्री प्रकाशकां (ओटीटी प्लॅटफॉर्म) खातीर आनी ओटीटी प्लॅटफॉर्मांच्या स्वयं-नियामक संस्थां खातीर सल्लागार जारी केला. भारताच्या कायद्यांचे आणि माहिती तंत्रज्ञान नियम, २०२१त थारायिल्ल्या आचारसंहितेचें खर पालन सुनिश्चीत करपा खातीर हो सल्लागार जारी केला. कांय ओटीटी प्लॅटफॉर्म आनी सोशल मिडिया प्रकाशकांनी उजवाडाक हाडिल्ल्या अश्लील, लैगिक अश्लील आनी असभ्य सामुग्रीचो प्रसार करपा संबंदी संसद वांगड्यांचे संदर्भ, वैधानीक संस्थांचे प्रतिनिधीत्व आनी भौशीक कागाळी उपरांत हो सल्लो जारी केला. मंत्रालयान आपल्या सल्लागारांत आचारसंहिते खाला थारायिल्ल्या सामुग्रीच्या पिराये प्रमाण वर्गीकरणाचेर खर पालन करपाचेर भर दिला. प्लॅटफॉर्मवरवीं आचारसंहितेचें उल्लंघन केल्यार योग्य सक्रिय कारवाय करपाची विनंती ओटीटी प्लॅटफॉर्मांच्या स्वयं-नियामक संस्थांक केल्या. बायलांचें अश्लील प्रतिनिधित्व कायदो, 1986, भारतीय दंड संहिता BNS,2023, लैंगीक गुन्यांवांतल्यान भुरग्यांची राखण कायदो (POCSO) कायदो आनी म्हायती तंत्रज्ञान (आयटी) कायदो, 2000 हांच्या तरतुदीं कडेन मंत्रालयान ओटीटी प्लॅटफॉर्मांचें लक्ष वेधले जातूंत अश्लील वा असभ्य सामुग्री प्रकाशीत करप हो दंडनीय गुन्यांव थारता.

Break audio

Mahesh sir 100

संसारिक ऑडिओ व्हिजुअल आणि मनरिजवण शिखर परिषद म्हळ्यार WAVES चेर सर्जनशीलता, नावीन्य आणि कलात्मक अभिव्यक्तीची आव्हानांच्यो रोमांचक श्रेणीत सुरु जातात . प्रत्येक आव्हान तुमच्या कुशळतायेक आव्हान दिवपाक आणि तुमची प्रतिभा प्रदर्शित करपाक आनी मुखार नोकरीच्यो संद निर्माण करपाक प्रेरित करुंक तयार आसा .ॲनिमेशन, गेमिंग, E स्पोर्ट्स, कॉमिक्स, फिल्ममेकिंग आणि अशा 27 आव्हानां हातूंत आस्पावता आकाशवाणीच्या प्रादेशिक विभागाच्यो खबरानि आमी तुमका हेविशीं माहिती दितलीच अधिक माहीती खातीर www.wavesindia.org ह्या संकेत थळाक भेट दियात. आज तुमका सांगतात ऍनिमे चॅलेंज हाचे विशी. हातूंत भारतीय सर्जनशील आणि मांगा, वेबटून आणि ऍनिमे हाचे ध्येय दवरला. हाकालागून राज्य आणि राष्ट्रीय पावंड्यार सर्त दवरल्या. हातूंत हौशी आणि वेवसायिक दोगीय वाटो घेव येता

Rajashri 180

मडगांवां रवीन्द्र भवनांत 21 ते 23 फेब्रुवारी ह्या काळांतगोवा अल्कोहोलीक अनोनिमस संस्थेच्या 50 व्या वर्धापन दिसा निमतान संस्थे वतीन परिशदेचें आयोजन केलां. तातूंत सुमार 600 प्रतिनिधी आनी संस्थेचे पदाधिकारी हाजीर आसतले. अशी म्हायती गोवा अल्कोहोलीक अनोनिमसचे अध्यक्ष सुधाकर जी हांणी मडगांवां घेतिल्ले पत्रकार परिशदेंत दिली.हे कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हण सभापती रमेश तवडकार हाजीर आसतले

तशेंच गोंय पुलीस म्हासंचालक आलोक कुमार, कर्नाटकाचे अतिरिक्त पुलीस म्हासंचालक अरूण चक्रवर्ती, पुलीस उपअधिक्षक राजेंद्र प्रभुदेसाय, गोमॅकॉचे वैजकी अधिक्षक राजेश पाटील, डॉ. आशिष देशपांडे, आमदार दिगंबर कामत आनी आमदार विजय सरदेसाय हाजीर रावतले. सोरो पियेवन गाडी चलयल्ल्यान अपघातांचें प्रमाण वाडलां. ताका लागून लोकां मदीं जनजागृतीची खूब गरज आसा. सोऱ्याचें व्यसन आशिल्ल्यो खूबश्यो बायलो उपचारा खातीर मुखार येनात. तांणीय सोरो पियेवपाची संवय सोडपा खातीर कोणाचीच लज धरिनासतना उपचार करून घेवपाची गरज आसा. तातूंत हेरांक लेगीत व्यसना पासून मुक्ती मेळोवपाक प्रेरणा मेळपाक शकता. होच हे परिशदेचो उद्देश आसा. बायलां मदलो भंय पयस करचे खातीर हया दुयेंसांतल्यान बरे जाल्ल्यां कडेन चर्चा लेगीत करपाक मेळटली, अशें सुधाकर जी हांणी सांगलें.हे परिशदेचो उक्तावण सुवाळो 21 फेब्रुवारीक जातलो. त्या वेळार व्यसना पासून मुक्ती मेळोवच्यो खातीर खंयचे पांवडे हुपचे पडटात, म्हायती दिवन जाग-ताय करतले, अशेंय सुधाकर जी हांणी सांगलें.

Rajashri 230

भारतीय भाषा समिती, शिक्षण मंत्रालय -, नवी दिल्ली, विश्वविद्यालय अनुदान आयोग आनी शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाला, गोंय विद्यापीठ हांच्या जोडपालवान 'कोंकणी शैक्षणीक साहित्य निर्मिती लेखन कार्यशाळे 'चें आयोजन 20 आनी 21 फेब्रुवारी अशे दोन दीस गोंय विद्यापिठांत केलां. एन.ई.पी. 2020 म्हणल्यार नवें शिक्षणीक धोरण 2020 चे शिफारशींक लागू केले उपरांत शिक्षणीक मळार भाशांक आनी खास करून प्रादेशीक भाशांक उपाट म्हत्त्व फावो

जालां. विंगडविंगड मळा वयलें साबार शिक्षण दरेका भारतीयाक ताचे आवयभाशेंत आत्मसात करप सहज शक्य आसता. ताका लागून भारतीय भाषा समिती प्रादेशिक भाषांनी पुस्तका तयार करपाच्या वावराक लागल्या. हे खातीर कार्यशाळेचे आयोजन केला. कार्यशाळेत वेगवेगळ्या  विशयांतले तज्ञ, लेखक तशेंच प्राध्यापक वांटो घेतले. हे कार्यशाळेचें उक्तावण 20 फेब्रुवारीक सकाळीं 10 वरांचेर गोंय विद्यापिठाच्या परिशद सभाघरांत जातलें. तातूंत विश्वविद्यालय अनुदान आयोगाची (यूजीसी) संयुक्त सचीव डॉ. अर्चना ठाकूर, गोंय विद्यापिठाचे कुलगुरू सिनियर प्रो. हरिलाल बी. मेनन, शणै गोंयबाब साहित्य आनी भाशा महाशालेची अधिश्ठाता प्रो. अनुराधा वागळे, विद्या प्रबोधिनी महाविद्यालयाचे प्राचार्य प्रो. भूषण भावे, कोंकणी अध्ययन फांट्याचे संचालक डॉ. हनुमंत चोपडेकार उपस्थीत आसतले. उद्घाटन सत्रा उपरांत ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतवंत कोंकणी लेखक दामोदर मावजो हे विशया कडेन सुसंगत अशें उलोवप करतले.

कोंकणी भाशेंत पुस्तक बरोवपाक इत्सूक पन्नासा परस अदीक प्रस्ताव भारतीय भाशा समिती कडेन पाविल्ले आसात. दरेका लेखकाक एक कोंकणी भाशीक सहकारी दिवन हीं पुस्तकां बरोवपाची प्रक्रिया पुराय करपाची आसा.राष्ट्रीय कार्यशाळेत तज्ञां कडच्यान पुस्तक लेखनांत आनी प्रकाशनांत खंयच्यो तंत्रीक गजाली येतात, पुस्तक बरयतना लेखकांनी खंयचे बारकावे जतनायेन पळोवपाक जाय अश्या विविध वटांचें मार्गदर्शन हे कार्यशाळेत जातलें.

Santosh 130

छत्रपती शिवाजी महाराज हे एक उत्तम प्रशासक अशिल्ले .लोकांनी तसेच राजकर्त्यांनी ताचो आदर्श नजरे समोर धरून कार्य केल्यार

निश्चितच यश मेळता.तांचो आदर्श नागरसमोर धरून आपूण गोंयचो राजकारभार चलयता .गोयक उदर गतीचे बाबतीत देशातले एक आदर्श राज्य करपाक गोय सरकाराचो यत्न आसा. सगळ्या गोयकारांनी गोय सरकाराक सहकार्य करपाक जाय असे मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. पर्यटन खाते ,माहिती आणि प्रसिद्धी खाते ,शिक्षा विजन दिवचल हांचकया जोडपालवान दिवचले आयोजित केल्या शासकीय शिवजयंती कार्यावळीत मुखेल सोयरे मुख्यमंत्री उलयल्लें. हे वेळा त्यांचे वांगडा भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष दामू नाईक, दिवचल मतदार संघाचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये, नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर ,आदले आमदार राजेश पाटणेकर आणि हेर मानेस्त हजर आशिल्ले. विजयकुमार नाटेकर हाणीं येवकाराचें उलोवप केले. समृद्धी गणपुले हिने कार्यावळीचे सूत्रसंचालन केले आणि नरेश कडकडे हाणीं उपकार मानले. उप्रांत कोल्हापूर महाराष्ट्र पंगडान सादर केली शिवयान ही सांस्कृतिक कार्यावळ जाली.

Rajashri 110

बूक माय शो फावंडेशनान 'बूक ए चेंज'ची घोशणा केल्या. ताचो उद्देश संगीत आनी परफॉर्मींग आर्टच्या माध्यमांतल्यान गरजेवंत प्रतिभावंतांची जीण समृद्ध करपाचो आसा.2024 त बूक माय शोन भारतांतलो आघाडेचो मनरिजवण प्लॅटफॉर्म म्हूण 'बूक ए स्मायल' सुरू केल्लें. आतां हो उपक्रम 'बूक ए चेंज' म्हूण विकसीत जाला. ताचो उद्देश दुबळ्या घटकांतले व्यक्ती आनी समाजा खातीर संगीत आनी परफॉर्मींग आर्टसांत प्रवेश मेळोवन दिवप. 'बूक ए चेंज'चो मुख्य संकल्प फुडारांत संगीत आनी कला मळा वयल्या प्रतिभांक प्रेरणा दिवप आनी घडोवप हो आसा.फक्त संगीत आनी कला कुशळटाये पुरते मर्यादीत रावनासतना हो उपक्रम समग्र उदरगतीक उर्बा दिता. तातूंत भावनीक, समाजीक आनी बौद्धीक उदरगतीक चालना दितात. तातूंत जापसालदारकेची भावना, आत्मसन्मान, सहानुभुती, उद्देश आनी

खंबीरता ह्या सारक्या गुणांचें बीं घालून व्यक्तीमत्व घडोवपाचेर भर दितात.

**नमस्कार**